Panaji national 7 april 2026 at 6.30 pm

हेल्थ

उत्तम भलायकी ही एका सुखी, उत्पादक आणि समृद्ध समाजाची बुनयाद अशे जागतिक भलायकी दिसा निमित्त एका सोशल मीडिया पोस्टात उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी म्हळां. प्रतिबंधात्मक भलायकी सेवा, संतुलित जीवनशैली आणि सगळ्यां खातीर दर्जेदार वैजकीय सेवांची समान उपलब्धता हांका प्रोत्साहन दिवन एक निरोगी राष्ट्र घडोवपाच्या आपल्या वचनबद्धतेची परत एकदा पुष्टी करपाचे आवाहन ताणी  केले. उपराष्ट्रपतींनी करुणा आणि वचनबद्धतेन मानवतेची सेवा करपी भलायकी कर्मचाऱ्यांच्या अथक समर्पणाची प्रशंसाय केली.

पीएम

व्हिएतनामचे अध्यक्ष म्हणून निवड झाल्याबद्दल टो लाम हांचे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी अभिनंदन केला. मोदींनी विश्वास व्यक्त केला की त्यांच्या फुडारपणाखाल भारत आणि व्हिएतनाम मदली आदी सावन टिकलेली इश्टागत अधिक घटट जायत रावतली. लोकांच्या आणि प्रदेशाच्या प्रगती व समृद्धी खातीर व्यापक सामरिक भागीदारी अधिक घट्ट करपाक एकठांय काम करपाक आपुण उत्सुक आसा अशे मोदीनी म्हळां.

महेश

कॉमन वेल्थ parliamentary  असोसिएशन (CPA) इंडिया रीजन झोन - 7 ची परिषद  गोयात 8 ते 10 एप्रिल, मजगती  जावपाची  आसा.  ते  विशीचे  मीडिया सल्लागार,पत्र सूचना कार्यालय आणि प्रसारण मंत्रालय भारत सरकार प्रेस माहिती ब्युरो माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान जारी केल्या. ह्या कार्यावळीक लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, राज्यसभा उपसभापती हरिवंश सिंह, ८ एप्रिलाक दनपारा देडाक

दाबोली आंतरराष्ट्रीय विमानतळर पावतले. हे विशीची या वृत्तांकना खातीर वार्ताहर/कॅमेरामन/छायाचित्रकार हांची नियुक्ती करची अशे पीआयबी संचालक नाना मेश्राम हाणी आवाहन केला

Chauhan

अन्न सुरक्षा सुनिश्चित करप आणि शेतकऱ्यांचे उत्पन्न वाडोवप हे सरकारचे सर्वोच्च प्राधान्य आसां अशे कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी जयपूरात आयोजित प्रादेशिक कृषी परिषदेत उलयताना म्हळा. कृषी क्षेत्र मजबूत करपाक ठोस आणि बहुआयामी प्रयत्न करतात. शेतकऱ्यांक सक्षम करपाक आणि त्यांका आत्मनिर्भर करपाक, शेतीत विविधता हाडप आवश्यक आसा हाचेर त्यांनी भर दिलो. नवीन तंत्रज्ञानाचो अवलंब करप, आधुनिक शेती पद्धतींक प्रोत्साहन दिवप आणि एकात्मिक शेती प्रणालीर लक्ष केंद्रित करप ही काळाची गरज आसा अशे चौहान हांणी म्हणले. पर्यावरणाचे रक्षण करत कृषी क्षेत्राक मुखार व्हरप तितकेच महत्त्वाचे आसा. सैमिक शेतीचो अवलंब करपाचेर आणि खतांचो योग्य वापर सुनिश्चित करपाचेर विशेष भर दिवुंक जाय अंशे सांगुन त्यांनी राज्यांक शेतकरी ओळखपत्रां (Farmer IDs) तयार करपाचे आवाहन केले, कारण या उपक्रमान शेतकऱ्यांक सरकारी योजनांचे लाभ थेट आणि पारदर्शकपणान मेळपाक मदत जातली अशे ताणी सांगले

Gas

देशभरांत पेट्रोल, डिझेल, एलपीजी आनी पीएनजीची पुरवण सुरळीत आसा अशें सरकारान सांगलां. अस्तंत आशियांतल्या ताज्या घडामोडीं विशीं आयज नवी दिल्लींत जाल्ले आंतर मंत्रालयीन बसकेंत म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें कि , खंयच्याच एलपीजी वितरक केंद्रांत साठो सोपिल्ल्याचेची म्हायती मेळूंक ना. सगळे पेट्रोल पंप सुरळीतपणांन चलतात आनी पेट्रोल आनी डिझेलाची फावो ती उपलब्धताय आसा, आनी तातूंत उणाव जावंक ना अशें तांणी सांगले

## वेदर

भारतीय हवामान विभागान मुखावल्या तीन दिसां खातीर ईशान्य भारत, हिमाचल प्रदेश आणि पंजाबाक लागून आशिल्या जम्मू आणि काश्मीरात सगळीकडे पावसाचो अंदाज दिला. आयएमडीन उत्तराखंड आणि पश्चिम हिमालयीन प्रदेशाकडचे मैदानी प्रदेश, मध्य भारत, ओडिशा आणि दर्यादेग आंध्र प्रदेशात तीन दिस तुरळक पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. तसेच, दिल्ली, चंदीगड, हरियाणा, पंजाब, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, बिहार आणि झारखंडात दोन दिस गडगड आनी गारपिटीची दाट शक्यता हवामान खात्यान दिल्या

## Sports

आयपीएल क्रिकेटीत राजस्थान रॉयल्स आणि मुंबई इंडियन्स या मदलो खेळ गुवाहाटी हांगा बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमाचेर सांजे ७:३० क जातलो. राजस्थान रॉयल्स सध्या गुण/तालिकेत तिसऱ्या स्थानार आसा तर मुंबई इंडियन्स सव्या सुवातेर आसा. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळूर दुसऱ्या आसा.